आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date: 26/04/2025 6.30 PM

देशातले तरणाटे राष्ट्रनिर्माणे सक्रियपणंन वांटो घेतात तेन्नाच राष्ट्राची नेटान उदरगत जाता आनी देशांची तांक संवसाराक दिष्टी पडता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां . ताणी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवी वेगवेगळ्या सरकारी खाति आनी संघटनांनी नव्यान नेमणूक केल्या 51 हजारां वयर तरणाट्यांक नेमणूक पत्रां भेटायली . सरकारान अर्थसंकल्पांत उत्पादन अभियानाची घोषणा केल्या ताचो हेतू 'मेक इन इंडिया'चो प्रसार करप आनी देशांतल्या तरणाट्यांक संवसारीक पांवड्यावेलीं उत्पादनां तयार करपाची संद दिवप असो आसा अशें तांणी सांगलें. हाकालागून लाखांनी सूक्ष्म, लघु आनी मध्यम उद्देजकांक चालना मेळटली,तशेच देशात रोजगाराच्यो नव्या संदी मेळटल्यो. देशाचे उदरगतीत बायलांचें मोलादीक योगदान आसा नोकरि , अंतरिक्ष आनी विज्ञान ह्या मळार देशांतल्यो बायलो नव्या उंचायेर पावल्यात अशें तांणी म्हळा .सरकार गांवगिऱ्या बायलांच्या सशक्तीकरणाचेरूय लक्ष केंद्रीत करता अशें सांगलें. तशेंच 1 मे ते 4 मे मजगत मुंबयंत जावपी वेव्स परिशदेचोय उल्लेख तांणी केलो . ही परिशद डिजिटल सामुग्री क्षेत्राच्या फुडाराक नवी दिका दितली असो विस्वास तांणी हे वेळार उक्तायलो. देशभरांतल्या 47 सुवातींनी आयज रोजगार मेळावो आयोजीत केलो

पयल्या स्वदेशी कृत्रिम बुध्दी सॉफ्टवेअराचें मुळावें मॉडेल तयार करपा खातीर सर्वम AI ह्या स्टार्टअपची निवड केल्याचे केंद्र सरकारान जाहिर केले . इलेक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज नवी दिल्लींत इलॅक्ट्रॉनिक्स घटक उत्पादन उर्ब येवजणेची मार्गदर्शक तत्वां आनी ऑनलायन पोर्टल चालीक लायले . भारताक इलॅक्ट्रॉनिक्स पुरवण साखळींत आत्मनिर्भर करपाहेतान हालींच केंद्रीय मंत्रीमंडळान हे येवजणेक मान्यताय दिल्या. हे येवजणखातीर 1 मे सावन ऑनलायन पोर्टला वरवीं अर्ज मेळटले .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात' कार्यावळीचो हो 121 वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

देशांतल्या मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांत पोलाद क्षेत्रानं इतिहासीक कामगिरी केल्या अशें केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी किशन रेड्डी हांणी सांगलें. आयज मुंबयंत जाल्ल्या इंडिया स्टील 2025 आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शन आनी परिशदेंत ते उलयताले. 2047 मेरेन विकसीत भारताचें सपन साकार करपा खातीर तिख्या क्षेत्रा वांगडाच कोळसो क्षेत्र वाडपाक जाय हाचेर तांणी भर दिलो

राष्ट्रीय सुरक्षच्या हेतान आतंकवाद विरोधी कारवाय आनी सुरक्षा दळांच्या हालचालीचे थेट कव्हरेज दाखोवपासून पयस रावपाचो सल्लो म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान सगल्या प्रसार माध्यमांक जारी केला. राश्ट्रीय सुरक्षखातीर माध्यमां, डिजिटल प्लॅटफॉर्म आनी व्यक्ती हांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें तातूंत म्हळा .

केंद्र सरकारान प्रवाशांच सोय, सुरक्षीतताय आनीनेमाक पाळो दिवून हवाईबंदी वाठारातल्या प्रवासाखतिर उपाय चालीक लावपाचे निर्देश विमान कंपन्यांक दिल्यात. हालींच आंतरराष्ट्रीय हवाई क्षेत्र बंद जाल्ल्यान जायत्या उड्डाण मार्गांनी म्हत्वाचो बदल केला, जाका लागून उड्डाणाचो वेळ वाडला आनी तंत्रीक थांब वाडपाची  शक्यताय आसा अशें नागरी विमान मंत्रालयान सांगलां. तेखातीर गरजेची सगळी म्हायती प्रवाशांक दिवपाचे निर्देश मंत्रालयान विमान कंपन्यांक दिल्यात .  तशेच विमानांत फावो तें जेवण, हायड्रेशन, आनी वैजकी पुरवणची खात्री करपाक सांगलां.

जम्मू आनी काश्मीरांत नियंत्रण रेशेलागसारच्या सुवातींनी पाकिस्तानान झुजाबंदीचे उल्लंघन करून फारपेट केलो ताचो भारतीय सैन्यान प्रभाविपणंन प्रतिकार केलो . भारतीय सैन्यांन परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरल्याआनी पुराय काश्मीर वठरत  खास करून दक्षिण काश्मीर जिल्ह्यांनी चवकशी आनी सोद कारवाय सुरू आसा

जम्मू-काश्मीरांतल्या पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळान खर निशेध केला. आतंकवाद हो संवसारीक शांततायेक व्हड धोको आसा आनी ह्या प्रकरणांत सगळ्या देशांनी आंतरराश्ट्रीय कायद्या खाला सहकार्य करचें अशें आवाहन केलें.

पाकिस्तानाचो संरक्षण मंत्री ख्वाजा मुहंमद आसिफ हाणी  फाटल्या तीन दशकां सावन पाकिस्तानान आतंकवादी गटांक तेंको दिल्याचे मान्य केलां. पाकिस्तान अस्तंती देशांवतीन अशी कृती करता अशें तांणी ब्रिटीश चॅनलाक दिल्ले मुलाखतींत सांगलें.

संवसारभरांतल्या रोमन कॅथलिक इगर्जेचे मुखेली पोप फ्रांसिस हाच्या कुडीचेर आयज रोमांतल्या सेंट मेरी मेजरच्या बॅसिलिकात निमाणे संस्कार जाले . राष्ट्रपति मुर्मु आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पोप फ्रांसिस हांका आरगा ओपल्यात

उडान येवजणे खाला 1कोटी एकोणपन्नस लाखं परस चड प्रवाशांनी परवडपी प्रादेशिक हवाई प्रवासाचो लाव घेतला अशी म्हायती नागरी विमान मंत्रालयान दिल्या . सध्या 625 उड्डाण मार्ग देशांतल्या 90 विमानतळांक जोडटात. 2014 वर्सा देशांत 74 विमानतळ आशिल्ले, ते फाटल्या धा वर्सात दुपेटी परस चड वाडून 159 जाल्यात अशे नागरी विमान मंत्रालयान सांगला .

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजे 7:30 वरांचेर कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानार कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स पंगडा मजगती खेळ जातलो

नमस्कार